<u>राष्ट्रीय खबरो</u>

०५.०२.२०२६ ८.४० AM

- केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत भारताचो पयलो सहकारी आदारीत रायड-हेलिंग प्लॅटफॉर्म ‘भारत टॅक्सी’ सुरू करतले
- मलेशियाचे प्रधान मंत्री अन्वर इब्राहिम यांच्या निमंत्रणा वेल्यान प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी ७ ते ८ फेब्रुवारी क मलेशियाचो अधिकृत दौरा करतले
- भारत-अमेरिका व्यापार कबलात सारे आणि शेतीसारख्या संवेदनशील क्षेत्रांक संरक्षण दिला, अशे केंद्रीय मंत्री पियुष गोयल यांनी सांगले.
- क्रिकेटांत न 19 वर्सां सकयल्या एका दिसाच्या क्रिकेट विश्वचषकाच्या फायनलींत फाल्यां भारतीय पंगड इंग्लंड पंगडाआड खेळटलो

शाह 125

केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत भारताचो पयलो सहकारी आदारीत RIDE HAILING प्लॅटफॉर्म ‘भारत टॅक्सी’ सुरू करतले. देशांतल्या सहकारी क्षेत्राक घटमूट करपाक आनी समावेशक, नागरिक केंद्रीत गतिशीलता उपाय चालीक लावपाक हो एक म्हत्वाचो मैलाचो फातर थारतलो. हो प्लॅटफॉर्म 'सारथी' ह्या नांवान वळखतात त्या चालकांक मालकी, संचालन आनी मोल निर्मितीच्या केंद्रस्थानार दवरतले आनी तांकां शोषण करपी एग्रीगेटर-आधारित मॉडेल्सपासून मुक्त करतले अशें सहकार

मंत्रालयान सांगलां. हो प्लॅटफॉर्म शून्य कमिशन आनी अतिरिक्त शुल्क मुक्त किंमत मॉडेलाचेर काम करतलो , जातूंत फायद्याचे थेट वितरण चालकांक  करतले. भारत टॅक्सी भलायकी विमो, अपघात विमो, निवृत्ती वेळार बचत आनी समर्पित चालक समर्थन प्रणाली वरवी सारथींच्या सामाजिक सुरक्षेक  प्राधान्य दिता अशें मंत्रालयान नमूद केलां. तशेंच ‘BIKE दीदी’ सारके उपक्रम राबयतात , जाचे खाला आतां मेरेन देडश्या  परस चड बायल चालक भारत टॅक्सींत सामील जाल्यात अशेंय तातूंत म्हणलां.

नबीन 80

मुख्यमंत्री रेवंत रेड्डी हांच्या फुडारपणा खाला तेलंगणा काँग्रेस सरकार राज्यांतल्या हिंदू देवळांक आनी परंपरेक लक्ष्य करून फूट घालपी राजकारण आनी तुष्टीकरण करता अशें भाजपा अध्यक्ष नितीन नबिन हांणी म्हणलां. काल तेलंगणाच्या महबूबनगरांत जाल्ले भौशीक बसकेंत उलयतना नबिन हांणी भाजपान सनातन धर्म आनी हिंदू भावनांची राखण करपाचो सोपूत घेतला अशें सांगलें आनी काँग्रेसीक आपल्या कृतीचे परिणाम भोगचे पडटले अशी शिटकावणी दिली. तशेंच त्यांनी पक्ष कार्यकर्त्यांक मोदी सरकारच्या धोरणांर आणि काँग्रेस सरकारन, विशेषतः बायला, शेतकार आणि वंचित समुदायांक आर्थिक मदतीबाबत दिल्या आश्वासनांच्या पूर्त/तेतल्या अप/यशाचेर उजवाड घालून, नेटान प्रचार करपाचे आवाहन केले.

MODI 70

मलेशियाचे प्रधानमंत्री अन्वर इब्राहिम ह्यांच्या  निमंत्रणा वेल्यान प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी ७ ते ८ फेब्रुवारीक मलेशियाचो अधिकृत दौरा करतले. प्रधान मंत्री मोदींचो हो तिसरो आनी ऑगस्ट २०२४त भारत-मलेशिया द्विपक्षीय संबंध 'व्यापक धोरणात्मक भागीदारी' मेरेन पावल्या उपरांतचो हो पयलोच दौरा आसा. परराष्ट्र मंत्रालयान सांगले की, या दौऱ्यावेळार प्रधान मंत्री त्यांच्या मलेशियन समपदस्था वांगडा द्विपक्षीय चर्चा करतले आनी भारतीय समुदायाच्या सदस्यांकडे तसेच उद्योग आणि व्यावसायिक प्रतिनिधींकडेय संवाद साधतले. ह्या भेटी वेळार धाव्वो  भारत-मलेशिया ceo  फोरमूय आयोजित करतले

पियुष 150

भारत-अमेरिका व्यापार कबलातीत   सारे आणि शेतीसारख्या संवेदनशील क्षेत्रांक संरक्षण दिला, अशे केंद्रीय मंत्री पियुष गोयल यांनी सांगले. केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल यांनी स्पष्ट केले की भारत-अमेरिका व्यापार कबलातीत सारे आणि शेतीसारख्या संवेदनशील क्षेत्रांची जतनाय भारत सरकारन घेतल्या. राज्यसभेत निवेदन करताना पियुष गोयल हाणी म्हणले की, ही कबलात लघु आणि मध्यम उद्योजक, msme, उद्योगपती, कुशल कामगार आणि उद्योगांक नवीन संधी प्रदान करतली. ही कबलात उत्पादन मजबूत करपाक, रोजगाराच्यो संधी वाडोवपाक आणि आर्थिक वाढीक चालना दिवपाक उत्प्रेरक

म्हणून काम करतली, तशेच दोनुय देशा खातीर  नवीन व्यवसाय मार्ग उघडतले. गोयल हांणी म्हणाले की, दोन्ही वटो व्यापार कबलाती कडे संबंधित महत्त्वाच्यो प्रक्रिया पूराय करपाक आणि कागदपत्रांक अंतिम रूप दिवपाक एकठांय काम करतले जाकालागून  त्याची पूराय क्षमता बेगीनात बेगीन पूराय करपाक मेळटले. ह्यो प्रक्रिया पूराय जाल्याउपरांत  कबलातीची माहिती रोखडीच जाहीर करतले. १४० कोटी भारतीयांच्या ऊर्जा गरजांचे रक्षण करप हे मोदी सरकारचे सगळ्यात व्हड प्राधान्य आसा. अशेय त्यांनी स्पष्ट केले **BYTE**

आता मुखवेलयो खबरो

जयशंकर 100

परराष्ट्र मंत्री एस जयशंकर यांनी गंभीर खनिजांच्या अति आव्हानां आणि संरचित आंतरराष्ट्रीय सहकार्या वरवी पुरवण साखळींक धोको कमी करपाचे महत्त्व अधोरेखित केला. अमेरिकेचे परराष्ट्र मंत्री मार्को रुबियो हानी  काल राती वॉशिंग्टन डीसीत आयोजित केल्या  क्रिटिकल मिनरल्स मंत्रीमंडळ बसकेत उक्तावण सुवाळ्यात उलयताना, डॉ. जयशंकर यांनी गंभीर खनिजां वेल्या FORGE उपक्रमाक भारताचो तेको आसा अशे  X चेर एका पोस्टत सांगले.  त्यांनी राष्ट्रीय क्रिटिकल मिनरल्स मिशन, दुर्मिळ पृथ्वी कॉरिडॉर आणि जबाबदार वाणिज्य यासारख्या उपक्रमांवरवी अधिक लवचिकतेच्या दिशेन भारताच्या प्रयत्नांचेर लेगीत उजवाड घालो. अमेरिकेचे उपराष्ट्राध्यक्ष जे.डी.

vance यांनी जागतिक गंभीर खनिज बाजारपेठेक आकार दिवपाक सहयोगी आणि भागीदारांक एकठाय काम करपाचे आमंत्रण दितना ताणी हे म्हणले.

JK 80

जम्मू आणि काश्मीरात संयुक्त सुरक्षा दलांनी काल किश्तवार जिल्ह्यात जाल्या चकमकीत एका दहशतवाद्याक मारलो . व्हाईट नाईट कॉर्प्सान 'एक्स' र तांच्या पोस्टात म्हणला की दहशतवाद्यांचो खातमो करपाक ऑपरेशन त्राशी-१ सुरू आसा आणि त्यापैकी एकाक मारून उडयले. आमच्या प्रतिनिधीन माहीती दिली की किश्तवार जिल्ह्यात चतरूच्या दिचाद भागात सुरक्षा दलांच्या संयुक्त पंगडानी कारवाय सुरू केल्या. सुरक्षा दलांच्या संयुक्त पंगडात दोन पॅरा स्पेशल फोर्सेसचो समावेश आसां. या भागात दहशतवादी आसा अशे विशिष्ट गुप्तचर माहिती मेळतकीच सैन्यान घेराबंदी आणि शोध मोहीम सुरू केल्या उपरांत फारपेट सुरू जालो

प्लास्टीक 60

संवसारांतल्या मुखेल प्लास्टीक प्रदर्शनांपैकी एक ‘प्लास्टइंडिया 2026’ आयज नवी दिल्लींत सुरू जाता. रसायन आनी सारें मंत्रालयान सांगलें की ह्या कार्यावळी वेळार दोन हजारां वयर आंतरराष्ट्रीय प्रदर्शक यंत्रणा, कच्चो माल आनी चक्रीय अर्थवेवस्थेच्या उपायांतल्या अत्याधुनीक नवनिर्माणांचें प्रदर्शन

करतले. वेपार, तंत्रगिन्यान, प्रतिभा आनी पर्यटन ह्या धोरणात्मक स्तंभां भोंवतणी घुंवतना मनीसबळ, साहित्य, यंत्रणा आनी बाजारपेठेच्या मळार भारताची तांक उजवाडाक हाडटली अशें मंत्रालयान सांगलें.

## सुदर्शिनी 80

आंतरराष्ट्रीय दर्या सहकार्याक चालना दिवपी INS सुदर्शिनीची पयली बंदर भेट ओमानातल्या सलालाह हागा दिली. संरक्षण मंत्रालयान माहिती दिली की हे देशाच्या समृद्ध् दर्या दायजाचे प्रदर्शन आणि आंतरराष्ट्रीय दर्या सहकार्याक चालना दिवपाक आसा. ही बंदर भेट भारत आणि ओमानाचे खोल रुजलेल दर्या संबंध आणि धोरणात्मक भागीदारी अधोरेखित करता. मंत्रालयान अधोरेखित केले की तीन दिसांच्या भेटी वेळार ओमानच्या रॉयल नेव्ही कडे वेगवेगळे व्यावसायिक संवाद आणि प्रशिक्षण कार्यक्रमांचे नियोजन आसा. हे जहाज शाळ/करी भुरगी आणि थळाव्या रहिवाशां खातीर लेगीत उक्ते आसतले, जाका लागुन दर्या जागरूकता आणि लोक-ते-लोक संबंध वाढतले

## बुक

गोयची राजधानी पणजीत डी.बी. बांदोडकर मैदानाचेर साहित्य आनी संस्कृतायेचो एक आगळेच संगम 'गोवा पुस्तक महोत्सव 2026' सुरू जाला. मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी पांच दिसांच्या महोत्सवाचें उक्तावण केले. उक्तावण उपरांत मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद

सावंत हांणी स्टॉलांक भेट दिवन लेखकां कडेन संवाद सादलो. 200 परस चड प्रका/शकांनी इंग्लीश, कोंकणी, मराठी आनी हिंदींतल्या पुस्तकां सयत ह्या महोत्सवांत वांटो घेतला. मारियो द मिरांडान केल्लें कला प्रदर्शन आनी सरदार पटेलाच्या देडशव्या वाडदिसाच्या निमतान स्थापन केल्ली खाशेली गॅलरी हीं ह्या महोत्सवाचीं मुखेल आकर्शणां. तशेंच भुरग्यां खातीर कार्यशाळा आनी संगीत कार्यावळी आयोजीत केल्यात. 8 फेब्रुवारी मेरेन सकाळीं 11:00 ते रातीं 8:00 मेरेन महोत्सव उक्तो उरतलो आनी सगळ्या पुस्तकांचेर 10 टक्के सवलत मेळटली.

स्पोर्ट्स 20

क्रिकेटांत झिंबाब्वेच्या हरारे हांगा जाल्ले दुसरे सेमीफायनल मॅचींत भारतान 19 वर्सां सकयल्या एका दिसाच्या क्रिकेट विश्वचषकाच्या फायनलींत प्रवेश केलो. फाल्यां भारतीय पंगड इंग्लंड पंगडाआड खेळटलो

वेदर 50

भारतीय हवामान खात्यान आज दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, उत्तराखंड आनी बिहारांत दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेश, मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश, अस्तंत उत्तर प्रदेश, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत अशीच परिस्थिती आसतली आशे सांगल्या.

- केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत भारताचो पयलो सहकारी आदारीत रायड-हेलिंग प्लॅटफॉर्म ‘भारत टॅक्सी’ सुरू करतले
- मलेशियाचे प्रधान मंत्री अन्वर इब्राहिम यांच्या निमंत्रणा वेल्यान प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी ७ ते ८ फेब्रुवारी क मलेशियाचो अधिकृत दौरा करतले
- भारत-अमेरिका व्यापार कबलात सारे आणि शेतीसारख्या संवेदनशील क्षेत्रांक संरक्षण दिला, अशे केंद्रीय मंत्री पियुष गोयल यांनी सांगले.
- क्रिकेटांत न 19 वर्सां सकयल्या एका दिसाच्या क्रिकेट विश्वचषकाच्या फायनलींत फाल्यां भारतीय पंगड इंग्लंड पंगडाआड खेळटलो